

# 5 कितले?

## आज्या बरोबर भायर वतना




भुरग्यांक चित्र पळोवपाक दिवचें आनी ते पार्कान खंयचे उपक्रम करतात तें सांगपाक दिवचें. तशेंच पार्कांत आयिल्ल्या लोकांच्या संख्येचेर ते चर्चा करूंक शकतात. देखीक, पयल्या चित्रांत कितलीं भुरगीं खेळटात आनी कितले  भुरगीं तांकां येवन मेळ्ळ्यांत वा जोडल्यांत. भुरग्यांक चर्चा करपाक लावप आजी-आजोबां वांगडा वेळ सारपाक आनी तांका कसो मान दिवप  ह्या सगळ्याचेर भासाभास करात.




## सगळे मेळून कितले? रित्यो सुवाती भरात.




4 भुरगीं आनी 2 भुरगीं मेळून ___ भुरगीं जातात.

4 + 2 = ☐



3 भोवरें आनी 1 भोवंरो मेळून _____ भोंवरें जातात.

3 + 1 = ☐



3 मुंयो आनी 2 मुंयो मेळून _____ मुंयो जातात.

3 + 2 = ☐



4 पेन्सी आनी 3 पेन्सीली मेळून____ पेन्सीली जातात.


4 + 3 = ☐

भुरग्यांक भरपूर कॉंक्रीटाच्या वस्तूंनी जोडणी करपाची फावो ती संद दिवची. दोन गट एकठांय करून (एकठांय) आनी तशेंच सद्याच्या वस्तूंच्या गटांत चड वस्तू जोडून (वर्धन) भुरग्यांक वस्तूंची वट्ट संख्या सोदून काडपाक प्रोत्साहन दिवप. दोनूय प्रकारच्या जोडणी समस्यांचेर भुरग्यां वांगडा सरावाचें काम करचें.




© NCERT not to be republished

## जोडात आनी काडात



6 आनी 2 चेंडू मेळून ____ चेंडू जाता.

$6 + 2 =$ ☐



$7 + 1 =$ ☐



## आतां मोजयात

1. तुमच्या आवय-बापायक सगळीं मेळून कितलीं भाव-भयणां आसात?
2. तुका आनी तुज्या इश्टाक मेळून एकूण कितलीं घरचीं आसात?
3. तुमच्या हाता-पायांक मेळून कितलीं बोटां आसात?
4. तुमच्या बोटांचेर तुमी कितले आंकडे मोजपाक शकतात?


भुरग्यांक जोड वाक्यां समजून घेवपाक आनी मोट्यान सांगपाक प्रोत्साहन दिवचें. देखीक- 4 भुरगीं आनी 2 भुरगीं एकठांय मेळून 6 भुरगीं जातात आनी 'अदीक' हें उतर जोडपाच्या चिन्नाकडेन (+) आनी 'एकूण' हें उतर (=) इतल्या चिन्नाकडेन जोडटात. भुरग्यांक प्रतिकात्मक प्रतिनिधीत्व वा संख्या जोडपाचे दिकेन फुडें वचचे पयलीं 'एकूण', 'योग', 'एकूण' आदी शब्दसंग्रह तयार करपाक ठोस साहित्या वांगडा काम करपाची संद दिवची.






© NCERT not to be republished


## मेजात आनी एकूण बोटांचो आंकडो बरयात.




4 + 3 =




3 + 2 =



5 + 3 =



4 + 0 =




4 + 4 =

© NCERT not to be republished



## खेळया-

एकाच वेळार दोन फांशे उडयात आनी दोनूय कडेन मेळून कितले टिपकें आयल्या तें पळयात. आतां तुमच्या इश्टांक फांसो उडोवपाक लायात आनी एकूण टिपकें सोदात. कोणाक चड गूण फावो जातले तें सोदात.





## आतां करुया

किशोर आनी नित्या हांणीय तोच खेळ खेळो. किशोर आनी नित्या कितल्या फावट जिकले हें (✓) खूण करून गुणतकट्याचेर घालात.



| | किशोर | नित्या |
|---|---|---|
| 1. | ✓ | |
| 2. | | |
| 3. | | |
| 4. | | |
| 5. | | |



| | किशोर | | | | | नित्या | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| 1. | ⚄ | आनी | ⚀ | = | 6 | ⚃ | आनी | ⚀ | = | 5 |
| 2. | ⚁ | आनी | ⚁ | = | | ⚁ | आनी | ⚄ | = | |
| 3. | ⚀ | आनी | ⚃ | = | | ⚃ | आनी | ⚃ | = | |
| 4. | ⚂ | आनी | ⚀ | = | | ⚁ | आनी | ⚂ | = | |
| 5. | ⚃ | आनी | ⚁ | = | | ⚃ | आनी | ⚂ | = | |




© NCERT not to be republished


## मणी आनी तंतू

सकयल दिल्ल्या आकड्यां प्रमाण तातूंत आशिल्ले मणी रंगयात आनी एकूण मणयांचो आंकडो सोदून काडात.


1. 3 + 4 = ____




2. 4 + 2 = ____




3. 5 + 4 = ____



4. 2 + 7 = ____



5. 7 + 3 = ____



भुरग्यांक तंतूतल्या मणयांनी खेळपाक प्रोत्साहीत करात. बेरीजाचे प्रक्रियेचेर चड लक्ष दियात आनी तांणी वापरिल्ल्या युक्तींचेर भासाभास करात.




© NCERT not to be republished

# लंगडा घालून बेरीज सोडून काडात.


4 + 2 =





3 + 2 =




5 + 3 =




6 + 3 =




© NCERT not to be republished

## तुमच्या पध्दतीन जोडात.

अब्दूल आनी रिबाना आपल्या पध्दतीन आंकड्यांची बेरीज करपाक सोदतात. तांकां योग्य ती संख्या सोदपाक आदार करात.



$$\begin{array}{r} 2 \\ +\ 3 \\ \hline \end{array}$$

$2 + 3 =$ ____

$$\begin{array}{r} 5 \\ +\ 1 \\ \hline \end{array}$$

$5 + 1 =$ ____

$$\begin{array}{r} 3 \\ +\ 3 \\ \hline \end{array}$$

$3 + 3 =$ ____

$$\begin{array}{r} 9 \\ +\ 1 \\ \hline \end{array}$$


$9 + 1 =$ ____


© NCERT not to be republished





## आतां करया

1. आंकड्याच्यो जोडयो भरता.




*कोनार्क सूर्य चॅरीयटांचें चांक*

2. जोडात आनी जुळयात.

| | | |
|---|---|---|
| 1 + 4 | 5 | 4 + 2 |
| 6 + 3 | 6 | 3 + 4 |
| 5 + 2 | 7 | 3 + 2 |
| 0 + 6 | 9 | 5 + 4 |



## प्रकल्पाचें काम

0 ते 9 मदलीं धा कार्डां घेयात.
सगळीं कार्डां अशें तरेन मांडात जेणे करून तांची बेरीज 9 जातली.
हें करपाच्यो साबार तरां आसात. तुमी कितल्या तरांनी करपाक शकतात?

☐ + ☐ = 9

☐ + ☐ + ☐ = 9

☐ + ☐ = 9

## बेरीजाची काणी

1. राघवा  कडेन 4  आनी सरिता  कडेन 5 शंख आसात . तांचे कडेन एकूण शंख कितले आसात? ☐

2. रणजीता कडेन 3  आनी मिनाक्षी कडेन 6 गड्डे आसात . तांचे कडेन एकूण  कितले गड्डे आसात? ☐

3. एका बॅगान तीन नाल्ल  आसात. दुसऱ्या बॅगान 4 नाल्ल  आसात. सगळे मेळून कितले नाल्ल आसात? ☐

## आमच्या बॅगान कितें आसात तें पळोवया.

तुमच्या इश्टां सयत करात आनी सकयल जापो बरयात.

1. म्हजे कडेन बॅगान _____ पुस्तकां आसात  आनी म्हज्या इश्टाच्य बॅगान पुस्तकां _____ आसात. आमचे कडेन एकूण _________ पुस्तकां आसात.


2. म्हजे कडेन _____ पेन्सीली आसात आनी म्हज्या इश्टा कडेन _____ पेन्सीली आसात. आमचे कडेन एकूण _____ पेन्सीली आसात.

3. म्हजे कडेन _____ चोपड्यो आसात आनी म्हज्या इश्टा कडेन _____ चोपड्यो आसात. आमचे कडेन एकूण _____ चोपड्यो आसात.



## चिंतात आनी करात.

दिल्ल्या कोश्टकांतले 1, 2 आनी 3 हे आंकडे बिंदू रेशींनी दाखयल्ले पद्धतीन बरयात, जाका लागून दरेक वटेन जोडून 6 जातले.




ही कार्यावळ जोडयेन करूं येता. भुरग्यांक सृजन करपाक प्रोत्साहन दिवपाचे जे करुन स्वताची अडचण आनी प्रस्न तयार करतली. तशेंच संवसारांतल्या सगळ्यांत पोरण्यां सूर्य देवळां विशीं वर्गांत चर्चा करात, कोनार्क, ओडिशा कोनार्क सूर्य रथांतल्या चाकांची प्रतिमा (पान 56) पळयात.



© NCERT not to be republished

# 5 ल्हान भुरगीं

5 ल्हान भुरगीं,
हात वयर करात,
तुमची सुवात आयली,
एकटो देंवलो,
आतां... उरलीं आमी चार







चार ल्हान भुरगीं
हात वयर करात
तुमची सुवात आयली
एकटो देंवलो झाडा कडेन...
आतां... आसात आमी तीन.




तीन ल्हान भुरगीं
हात वयर करात
तुमची सुवात आयली
चकचकत्या बुटा सयत
एकटो देंवलो,
आतां... आमी उरलीं दोन.

© NCERT not to be republished

दोन ल्हान भुरगीं
हात वयर करात
तुमची सुवात आयली
सुर्याक पळयत
एकटो देंवलो
आतां... एकटोच उरलो








ल्हान भुरग्या
हात वयर कर
तुजी सुवात आयली
खूप खोशी जावन
निमणें देंवता
आतां... बशीन कोण ना



## आतां उलोवया

1. सुरवेक बशींत कितलीं भुरगीं आसात?
2. पयल्या प्रासार कितलीं भुरगीं बशींतल्यान देंवतात?
3. पयल्या प्रासार देंवल्या उपरांत बशींत कितलीं भुरगीं उरल्यांत?
4. दुसऱ्या प्रासार देंवल्या उपरांत बशींत कितलीं जाणां आसात? तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या प्रासा खातीर लेगीत अशेंच तरेन जाप दियात.
5. निमणे कडेन बशींत कितलीं भुरगीं उरल्यांत?





## प्रकल्पाचे काम

तुमच्या घरा कडेन आशिल्ल्यांचो एकूण आंकडो सोदून काडात. कितलीं जाणां शाळेंत वतात, कितलीं जाणां कामाक वतात आनी कितलीं जाणां घरांच रावतात?

© NCERT not to be republished






## आतां करुन पळोवया

### कितले उरल्यांत?

1. रित्यो सुवाती भरात.

i.

6 बेबे — 2 उडी मारून गेले — ______ उरले

6 – 2 = ______

ii.








7 बोमाडे — ______ उडून गेले — 5 उरले

7 – 2 = ______

iii.

9 केळीं — 6 व्हेलीं — ____ उरलीं

9 – 6 = ______


© NCERT not to be republished

2. ज्यो वस्तूं उरल्यांत त्यो काडात आनी रित्यो सुवाती भरात.

i.   


____ कुंड्यो ____ कुंड्यो फुटल्यो ____ उरल्यो

3 – ______ = ______

ii.   

*7 लाडू* 4 खाले ____ उरले


7 – 4 = ______

iii.   

7 चेंडू ______ व्हेले ______ उरले

7 – ______ = ______

3. सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो दियात.

1 मनीशा  कडेन 9 केळीं आसात . तांणें 3 खालीं.

कितलीं केळीं उरलीं? ☐


~~ii. There are 8 butterflies~~  ~~on the flowers. 5 butterflies flew away. How many butterflies are left?~~ ☐

© NCERT not to be republished







## आतां करया.

तुमचें स्वताचें अशें 10 टिपक्यांचें कार्ड करात आनी कांय टिपकें तुमच्या इश्टां सावन लिपयात. कितलें टिपकें लिपिल्ले आसात तें तांकां विचारात.



### कितले टिपके दिसतात आनी कितले टिपके लिपल्यात?

| एकूण टिपकें 10 | लिपील्ले टिपकें | दिसपी टिपकें |
|---|---|---|
|  | 0 | 10 |
|  | | |
|  | | |
|  | | |




## प्रकल्पाचें काम


भुरग्यांक 8 टिपक्यांची एक फ्रेम करपाक लायात. कांय टिपकें हातांचो वा लेसाचो वापर करुन लिपयात आनी कितले टिपकें दिसतात आनी दिसनात ते पळयात. दुसऱ्या आंकड्या खातीर हीच कृती वाडयात. ही कृती आंकडें लिपयनासतना करुंक येता व्हय?

not to be republished © NCERT

## आंकड्यांच्या पट्टेर उलट्या क्रमान लंगडी घालात.





1. 9 आंकड्या वयल्यान 3 आंकडे फाटल्यान येयात.




9 – 3 = 6

2. 7 आंकड्या वयल्यान 4 आंकडे फाटल्यान येयात.




7 – 4 = 

## तुमच्या परीन वजाबाकी करात.

अ. 8 – 2 = 

ब. 7 – 3 = 

क. 9 – 5 = 

ड. 6 – 3 = 

इ. 5 – 1 = 

ई. 4 – 2 = 

© NCERT not to be republished